RAJASHRI KAMAT NATIONAL NEWS 30.10.2025 @ 8.40 AM

- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी मुंबईत इंडिया मेरीटाईम वीक २०२५ त मेरीटाईम लीडर्स कॉन्क्लेव्हत उलोवप केले
- बिहारांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार चड खर जाला
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातच्या दोन दिसांच्या दौऱ्याक सुरवात करतले
- सरकार आज आदर्श युव ग्रामसभा MYGS उपक्रमाची सुरवात नवी दिल्लींत करता.
- आयसीसी बायलांच्या एका दिसाच्या विश्वचषक सर्तींत आयज दनपारां दुसरे उपांत्य फेरयेंत भारत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो

मुर्मू 55

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी हरियाणातल्या अंबाला-कुरुक्षेत्रावेल्यान राफेल विमानात उड्डाण करतानाचो अणभव शेअर केला. सोशल मीडिया पोस्टत राष्ट्रपतींनी म्हणला की हो आपल्याकएक अविस्मरणीय अणभव आसा. प्राचीन भूमी आणि ब्रह्म सरोवर हे भारताच्या सांस्कृतिक विविधतेचे आणि ऐतिहासिक प्रवासाचे प्रतीक आसात हाचेर त्यांनी भर दिलो. राष्ट्रपती मुर्मू .हाणी म्हणाले की, देशाच्या लष्करी क्षमते वेलो तांचो विश्वास अधिक दृढ झाला .

मेरीटाईम 140

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी मुंबईत इंडिया मेरीटाईम वीक २०२५ त मेरीटाईम लीडर्स कॉन्क्लेव्हत उलोवप केले आणि ते ग्लोबल मेरीटाईम सीईओ फोरमचे अध्यक्षपदारय आसले. या वेळार ताणी भारताच्या दर्या आणि जहाज बांधणी क्षमतांक बळकटी दिवपाक २.२ लाख कोटी रुपयांच्या उपक्रमांची सुरुवात केली. दर्या क्षेत्र भारताच्या विकासाक चालना दिता. फाटल्या दसकात या क्षेत्रात लक्षणीय

बदल जाल्यात, व्यापार आणि बंदर मुळाव्या सुविधांक चालना मेळल्या अशे सांगुन ताणी सांगले की दर्या क्षेत्र वेगान आणि उर्जेन प्रगती करता आणि भारताच्या शिपिंग क्षेत्रात काम करपाची आणि विस्तार करपाची हीच योग्य वेळ आसा. BYTE

मोदींनी अधोरेखित केले की शिपिंग क्षेत्रात लाखो कोटी रुपयाची समजीकायेची कबलातीय केल्यात. त्यांनी भारताच्या सागरी मानवी संसाधनांच्या वाढत्या ताकदीव भर दित म्हटले की, फाटल्या दशकात भारतीय खलाशांची संख्या १.२५ लाखां वेल्यान ३ लाखांपरस चड जाल्या . आज, खलाशांच्या संख्येत भारत जागतिक स्तरार पथल्या तीन देशांमदी स्थान मेळ्यता हाचेर त्यांनी भर दिलो.

ELECT 55

बिहारांत विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार चड खर जाला. काल वेगवेगळ्या राजकीय पक्षांचे फुडारी आनी स्टार प्रचारकांनी राज्यभरात जायत्यो सभा घेतल्यो. विधानसभा वेंचणुकेचे फाटभुंयेर आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी बिहारांतल्या मुजफ्फरपूर आनी छपरा हांगा वेंचणुकेच्यो सभा घेतले. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज पाटणांत पत्रकार परिशद घेतले. मजगतीं, काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी राहुल गांधीन मुजफ्फरपूरांतल्यान वेंचणुकेची प्रचार सुरू केलो.

EC 60

नागरिकांच्यो सगळे दुबाव आणि कागाळींचे निवारण करपाक वेचणूक आयोगान राष्ट्रीय आणि राज्यस्तरीय मतदार हेल्पलाइन सुरू केल्यात. वेचणूक आयोगान नागरिकांचे सगळे दुबाव आणि कागाळींचे निवारण करपाक राष्ट्रीय मतदार हेल्पलाइन आणि सगळी ३६ राज्या आणि जिल्लो स्तरीय हेल्पलाइन सक्रिय केल्यात. राष्ट्रीय संपर्क केंद्र सगळी राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशां खातीर केंद्रीय हेल्पलाइन म्हणून काम करतली. ते सददा सकाळी ८:०० ते राती ८:०० मेरेन १८००-११-१९५० या टोल-फ्री क्रमांकावरी कार्यरत आस.

मोदी 75

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज गुजरातच्या दोन दिसांच्या दौऱ्याक सुरवात करतले. ते आयज केवडियाच्या एकता नगरांत 1,140 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या मुळाव्या साधनसुविधा आनी उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. उक्तावण करपाच्या प्रकल्पांत राजपिपला हांगाच्या बिरसा मुंडा आदिवासी विद्यापीठ, वामन वृक्ष वाटिका, ई-बस चार्जिंग डिपो आनी 25 इलेक्ट्रीक बशी हांचो आस्पाव जाता. तशेंच मोदी म्युझियम ऑफ रॉयल किंगडम ऑफ इंडिया, स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्स, शूलपानेश्वर घाटा लागसार जेटी उदरगत, स्टेच्यू ऑफ युनिटी हांगा प्रवासी पथ  अशा वेगवेगळ्या प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले.

MYGS 50

सरकार आज आदर्श युव ग्रामसभा MYGS उपक्रमाची सुरवात नवी दिल्लींत सुरू कर. पंचायती राज मंत्रालय, शिक्षण मंत्रालय आनी आदिवासी कल्याण मंत्रालय हांचो हो संयुक्त यत्न आसा. आदर्श युवा ग्रामसभा आनी MYGS पोर्टला वरवीं प्रशिक्षण मॉड्यूलाचेंय उक्तावण ह्या कार्यावळी वेळार जातलें. देशभरांतल्या हजारांनी शाळांनी हो उपक्रम सुरू केला अशें पंचायती राज मंत्रालयान निवेदनांत सांगलां.

इफ्फी 50

20 ते 28 नोव्हेंबर 2025 मेरेन गोंयच्या पणजी शारांत भारताचो 56वो आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव - इफ्फी 2025 जातलो आतां फकत मिडिया प्रतिनिधीं खातीर नोंदणी उक्ती आसा. एका अधिकृत खबरा निवेदना प्रमाण मान्यताय प्राप्त माध्यम वेवसायिकांक संवसारभरांतल्या नामनेच्या चित्रपट

निर्मात्यां वांगडा आनी कलाकारां वांगडा चित्रपट प्रदर्शन, पॅनल चर्चा, मास्टरक्लास आनी नेटवर्किंग सत्रांचो खासा प्रवेश मेळटलो.

मांडवीय 110

केंद्रीय मंत्री मनसुख मांडविया हांणी सरदार पटेलांचे दायज अधोरेखित केले, तरणाट्यांक प्रेरणा दिली  आनी म्हळे की सरदार वल्लभभाई पटेल हे या देशा खातीर एक दायज, एक कल्पना आणि एक प्रेरणा आसात. त्यांनी देशातल्या नागरिकांक, विशेषतः तरणट्यांक, विकसित भारत निर्माण करपाक त्यांच्या जीवनातल्यान प्रेरणा घेवपाचे आवाहन केले. नवी दिल्लीत आकाशवाणी भवनात सरदार पटेल स्मृति व्याख्यान-२०२५ त उलयताना ताणी म्हळे की जम्मू आणि काश्मीर मदले कलम ३७० काडून प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी, सरदार पटेल यांचे अपूर्ण काम पूर्ण करतात BYTE

भारताचे पयले माहिती आणि प्रसारण मंत्री आशीलले सरदार वल्लभभाई पटेलच्या आदरार्थ, आकाशवाणी वार्षिक सरदार पटेल स्मृति व्याख्यान आयोजित करता. या व्याख्यानाचे रेकॉर्डिंग ३१ ऑक्टोबराक सरदार पटेलच्या जयंतीनिमित्त आकाशवाणीच्या पुराय नेटवर्कर राती ९:३० प्रसारित करतले

गोयल 80

वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल यांनी सांगले की, भारतान स्वतःचे तंत्रज्ञान विकसित करप आणि महत्त्वाच्या इनपुट खातीर विशिष्ट भौगोलिक क्षेत्रांर चड अवलंबून रावप कमी करप अत्यंत महत्त्वाचे आसा. नवी दिल्लीत जाल्या टी आयइकॉन परिषदेत उलयताना  गोयल यांनी अधोरेखित केले की भारत हो नवोपक्रमाचे जागतिक इंजिन म्हणून उदेला जो फुडारा खातीर नवीन कल्पना, उत्पादनां आणि तंत्रज्ञान चलयता.  स्वदेशीची भावना फक्त देशातल्यान तयार करप, डिझाइन करप  वा सेवा दिवप याबद्दल ना तर वाढत्या अप्रत्याशित जागतिक वातावरणात दीर्घकालीन वाढ, सार्वभौमत्व आणि सुरक्षितता सुनिश्चित करपा बद्दल आसा. BYTE

हरिवंश 60

भारत आनी युरोपीय संघ हे दोन व्हड आनी जिती लोकशाय, उक्त्या बाजारपेठेची अर्थवेवस्था आनी बहुलवादी समाज अशें राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश हांणी सांगलें. भारत-युरोप संबंदांची गती वाडत आसा अशें तांणी म्हणले. काल नवी दिल्लींतल्या संसदेंत युरोपीय संसदेच्या आंतरराष्ट्रीय वेपार वेव्हार समितीच्या संसदीय शिश्टमंडळा कडेन संवाद सादतना ते उलयताले. हे बसकेंत दोनूय वटांनी भारत-युरोपीय संघाची एफटीए बेगीन जातली असो विस्वास ताणी उक्तायलो.

CRICKET **100**

आयसीसी बायलांच्या एका दिसाच्या विश्वचषक सर्तींत आयज दनपारां नवी मुंबयच्या डीवाय पाटील स्पोर्ट्स ॲकॅडमींत दुसरे उपांत्य फेरयेंत भारत ऑस्ट्रेलिये आड खेळटलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपारां 3:00 वरांचेर सुरू जावपाची आसा. आकाशवाणी ह्या खेळाचे धावते वर्णन इंग्लीश आनी हिंदी ह्या दोनूय भाशांनी दनपारां 2:30 सावन खेळ सोंपमेरेन प्रसारीत करतली.

ताचे आदीं काल रातीं गुवाहाटीच्या बरसापारा क्रिकेट स्टेडियमात जाल्ल्या खेळांत इंग्लंडाचेर 125 धांवड्यांनी जैत मेळोवन दक्षिण आफ्रिकेन आयसीसी बायलांच्या एका दिसाच्या विश्वचषक सर्तीच्या निमण्या खेळांत सुवात मेळयली.

वेदर40

भारतीय हवामान विभागान म्हवला की, आंध्र प्रदेश आणि लगतच्या तेलंगणावेले चक्रीवादळ मोंथा हे कमी दाबाच्या पट्ट्यात रूपांतरित जाला. ते आंध्र प्रदेश आणि लागीच्या तेलंगण आणि दक्षिण छत्तीसगड हुपुन उत्तर-वायव्येकडे सरकपाची शक्यता आसा. हवामान खात्यान आज बिहार, सौराष्ट्र आणि कच्छ हांगा अति घोग्याच्या पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला.